1`Panaji national 12 october 2026 at 6.30 pm devashri

pm

चेन्नईत 'जयगोपाल गरोडिया हिंदू विद्यालया'च्या भांगरामहोत्सवी सुवाळ्या वेळार प्रधानमंत्रा नरेंद्र मोदीनी भारतातल्या तरणाट्यांच्या जागतिक क्षमतेर उजवाड घालो. जागतिक समुदाय नवनवीन आव्हानांर नाविन्यपूर्ण उपाय सोदपाक प्रयत्नशील आसा,हो काळ युवा पिळगेचो. ज्ञानाच्या संपादना वांगडा ताची प्रत्यक्ष अंमलबजावणी करप तितलेच महत्वाचे आसा अशे सांगुन मोदीं haani विद्यार्थ्यांक व्हड स्वप्ना पळोवपाचे, वेगळो विचार करपाचे आणि निर्भयपणान कृती करपाचे आवाहन केले. Byte

Suryakant

जेन्ना घटनात्मक अधिकारांचे उल्लंघन जाता तेन्ना न्यायालयांनी तातुंत हस्तक्षेप करपाक जाय अशे नवी दिल्लीत राष्ट्रीय मानवाधिकार आयोगाच्या ३३ व्या स्थापना दिसानिमित्त उलयताना भारताचे न्यायमूर्ती सूर्यकांत हाणी म्हणला. न्यायमूर्ती सूर्यकांत हाणी म्हणले की, संविधानान प्रत्येक नागरिकाक प्रतिष्ठा, समानता, स्वातंत्र्य आणि न्याय यांसारखी व्यापक आश्वासनां दिल्यात. मानवाधिकार आयोगांनी कागाळीची चौकशी करपाक जाय, प्रणालीतले उणाव सोदुक जाय आणि ज्या समस्यांकडे हरशी दुर्लक्ष जावुक शकता वा ज्यो नजरेआड रावुंक शकतात, त्या समस्यांकडे संस्थात्मक पातळीर लक्ष दितले हाची खात्री करपाक जाय .सर्वोच्च न्यायालयाची दारां सगळ्यां खातीर उक्ती आसात आणि खंयच्याय सामान्य नागरिकाची वा लोकप्रतिनिधी संस्थेच्या सदस्याची याचिका स्वीकारतात ashe te ulayle

Rajanath singh

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हाणी सांगला की, फाटल्या काय वर्षांत सरकारान शस्त्रा आणि तंत्रज्ञानापासून ते गणवेश, उपकरणां आणि प्रशिक्षणा मेरेनच्या सगळ्याच क्षेत्रांत आत्मनिर्भरता आणि आधुनिकीकरण साध्य करपाचेर भर दिला. नवी दिल्लीत आज भारतीय लष्कर आणि 'फूड कॉर्पोरेशन ऑफ इंडिया' मदी समजीकायेची कबलात जाली. हे वेळार उलयताना सिंह हाणी म्हणाले की, भारत आता आपल्या संरक्षणाकडे संबंधित गरजांपैकी व्हड वांटो देशांतर्गतच पूराय करता. त्यांनी नमूद केले की, जेन्ना सरकार सैनिकांक सकस आहार, योग्य उपकरणां, दर्जेदार प्रशिक्षण आणि फाव ती सुविधा दिता तेन्ना त्यांचे मनोधैर्य वाडपाक मदत जाता

clinic

केंद्र सरकाraan सगळी राज्यां आणि केंद्रशासित प्रदेशांक सूचना केल्या की, वैजकीय सेवा दिवपी संस्थांनी त्यांच्यो सेवा आणि सुविधांचे दर ठळकपणान प्रदर्शित करचे. या उपक्रमाचो उद्देश दुयेतीक भलायकी सेवेबाबत माहितीपूर्ण निर्णय घेवपाक सक्षम करप, बिलां संबंधित वाद टाळप आणि भलायकी सेवां वेलो विश्वास घटट करप आसा. केंद्रीय भलायकी सचिव पुण्या सलिला श्रीवास्तव यांनी यासंदर्भात सगळी राज्यां आणि केंद्रशासित प्रदेशांच्या मुख्य सचिवांक पत्र बरयला. भलायकी सेवेच्या दरांबाबतच्या पारदर्शकतेचे महत्त्व अधोरेखित करताना, श्रीवास्तव यांनी नमूद केले की, दर ठळकपणान प्रदर्शित केल्यान दुयेतीक आणि त्यांच्या कुटुंबीयांक उपचारांचो संभाव्य खर्च समजपाक,योग्य निर्णय घेवपाक आणि वैजकीय खर्चाचे नियोजन करपाक मदत जातली.

Sports

क्रिकेटांत काल रातीं इंदौरांत जाल्ले तिसरे टी-20 आंतरराष्ट्रीय मॅचींत भारतान वेस्ट इंडीजाक 14 धांवड्यांनी हारयलो. 224 धांवड्योचो फाटलाग करपी वेस्ट इंडीज पंगडांन 20 ओव्हरींनी सात बाद 209 धांवड्यो केल्यो .

Imd

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, पंजाब आनी छत्तीसगड हांगा वीज आनी वादळां वांगडा गडगडपाचो अदमास उकतायला . फुडल्या दोन दिसांत तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, आंध्र प्रदेश, केरळम आनी माहे हांगाय अशीच हवामानाची स्थिती आसतली.